**रचणूक आनी जतनाय तंत्रज्ञानाचेर कार्यशाळेचें आयोजन**

ता. 27 जानेवारी 2025

गोंय ओव्हरसीज रोजगार एजन्सीन कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाच्या जोड पालवान 29 जानेवारी 2025 दिसा सकाळी 11.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था, आल्तिन्हो पणजी हांगा रचणूक आनी जतनाय तंत्रज्ञान विशयाचेर (Framing and Preservation Techniques) कार्यशाळेचें आयोजन केला.

फ्रान्स देशाची नागरीक आनी रचणूक/ जतनाय तंत्रज्ञान तंज्ञ नाथालिया सोफिया स्ट्राटा ही कार्यशाळा घेतली. ही कार्यशाळा गोंयच्या युवकांखातीर खास आसून कार्यशाळेंत कलाकृतीं, दस्तावेज, आदी वस्तुंची रचणूक आनी जतनाय करपा संबंदीत पारंपरीक आनी समकालीन कुशळटाय शिकयतले. रचणूक आनी जतनाय पद्दती खेरीज सामानाची निवड/ हाताळणी, प्रतिबंधात्मक जतनाय, जतनायेची यंत्रणां आनी युरोपीयन रचणूक दर्जो हे विशीं मार्गदर्शन करपात येतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/105

--
----------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.